# ट्राफिक सेन्टिनल येवजण आयज पुरस्कार वितरण

ता. 8 फेब्रूवारी 2018

19 माघ 1939

ट्राफिक सेन्टिनल येवजणेखाला दुसरो_पुरस्कार वितरण कार्यक्रम फाल्या ता. 9 फेब्रुवारी 2018 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर पुलीस मुख्यालय पणजी हांगा जातलो. 100 वा चड गुण मेळयल्ल्या 17 जाणांक हे वेळार पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर हांचे हस्तूकी पुरस्कार भेटयतले.

रस्त्याचेर येरादारीचे नेम पाळप आनी अपघात टाळप हो हया येवजणेचो उद्देश आूसन लोकांकडल्यान येवजणेक उत्कृश्ट प्रतिसाद मेळटा.